गोंयात आयजसावंन आंतरराष्ट्रीय पर्पल महोत्सवाची सुरवात जाली. गोंय दिव्याग सक्षमीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हाणी ह्या महोत्सवाचे उक्तव्यं केले.

मडगाव पुलिसांनी काल राती आकें वाठारांत धाड घालून 2 लाख 77 हजार रुपयांचो 27.48 ग्रॅम गांजो जप्त केलो. ह्या प्रकरणांत पुलिसांनी दुबावीत अरबाझ शेख (25, रा. तळेबांध) आनी झाहीद हसकोप (22, रा. रुमडामळ हावसिंग बोर्ड) हांकां अटक केली.
चड म्हायती प्रमाण, मडगांव पुलिसांनी बुधवारा रातीं छापो घालून दोगां दुबावितांक ताब्यांत घेतले. तांचे कडेन हो गांजो सांपडलो. मडगाव पुलीस निरीक्षक सूरज सामंत हांच्या मार्गदर्शना खाला उपनिरीक्षक नीलेश शिरवयकार आनी तांच्या वांगड्यांनी ही कारवाय केली. हो गांजो खंयच्यान हाडलो आनी तो खंय विकपाचे आशिल्ले हाचो तपास पुलीस करतात.

स्वच्छता कामगारांची भलायकी, सुरक्षा आणि सामाजिक-आर्थिक सक्षमीकरण सुनिश्चित करपाक सरकारच्या NAMASTE (नॅशनल ॲक्शन फॉर मेकॅनाइज्ड सॅनिटेशन इकोसिस्टम) योजनेचा एक भाग म्हणून, केंद्रीय सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार यांनी आज गोयाक भेट दिली आणि स्वच्छता कामगारांक PPE किट, सुरक्षा किट आणि आयुष्मान भारत आरोग्य काडीचे वाटप केले. मेळाव्यात उलयताना, डॉ. वीरेंद्र कुमार यांनी देशभरातल्या स्वच्छता कामगारां खातीर सन्मान, सुरक्षितता आणि सामाजिक सुरक्षा सुनिश्चित करपाक केंद्र सरकारच्या सुरू आशिल्या प्रयत्नांर भर दिला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता.

केंद्र सरकारच्या नशामुक्ती येवजणे खाला गोंयांत नशामुक्ती केंद्रां स्थापन करपाक केंद्र राज्य सरकाराक जायती मजत करतले. केंद्र सरकारच्या धोरणा प्रमाण राज्याक सगळ्या येवजणेंचो लाव मेळटलो, अशें केंद्रीय सामाजिक न्याय खात्याचे राज्यमंत्री रामदास आठवले हांणी सांगलें. पणजेत पत्रकार परिशदेत ते उलयताले. पर्पल महोत्सवाच्या उक्तावणा निमतान गोंयांत आयिल्या रामदास आठवले हांणी पणजेत पत्रकार परिशद घेतली.

एससी, एसटीच्या लोकसंख्ये प्रमाण राज्याक केंद्राकडल्यान निधी मेळटा. हे निधीचो वापर करपाची जापसालदारी राज्य सरकाराची आसता, अशें तांणी सांगलें.

बिहारात दलितांची मतां राष्ट्रीय लोकशाय आघाडेक मेळटली. ह्याका लागून बिहारात राष्ट्रीय लोकशाय आघाडेक पुराय भोवमत मेळोन सत्ता मेळटली, असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

१४ ऑक्टाेबर हा दीस संवासारीक मानक दीस म्हूण मनयतात. त्या निमतान भारतीय मानक ब्युराेच्या हुबळी फाट्यान आयज मडगांवां भागधारकांची एक बसका आपयिल्ली. ह्या बसकेचे उक्तावण दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गावकर हांणी केले. गिरायकांचे अधिकार आनी उत्पादनाचाे दर्जो हेविशीं लोकांमदी चडांत चड जागृताय जावपाची गरज ह्यावेळार तांणी उक्तायली.

ह्या अर्धा दिसाच्या भासाभास सत्रात वेगवेगळ्या उत्पादन कंपन्यांचे प्रतिनिधी, वेगवेगळ्या सरकारी कचेऱ्यांचे अधिकारी, गिरायक आनी विद्यार्थी हांणी वांटो घेतिल्लो. ह्यावेळार भारतीय मानक ब्युरोचे पालवी संचालक आनी विज्ञानिक आशुताेष अगरवाल हांणी भारतीय मानक ब्युरोन वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या कामाची म्हायती दिली. ह्याे ब्युरो देशातली राष्ट्रीय मानक संस्था आसून वेगवेगळ्या उत्पादनाच्या गुणवत्तेचे प्रमाणीकरण हे संस्थेवतीन जाता अशें तांणी सांगलें. ब्युरोचे पालवी संचालक तुषार शर्मा हांणी ह्यावेळार उलयताना उत्पादन वाठारांतली सुरक्षा, दर्जो अानी उत्पादनाचो विश्र्वास सांबाळून दवरपाखातीर हो ब्युरो काम करता तांणी सांगलें. ह्यावेळार भारतीय मानक ब्युराेचे हुबळी विभागाचे संचालक पी.एन. मुरली हे हाजीर आशिल्ले.

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 **oct** आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

साखळे नगरपालिकेन सुरु केल्या सोलर उपक्रमाविशी मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी नगरपालिकेची तोखणाय केली.

उत्तर गुजरातातल्या मेहसाणा हांगा आजपासून पयल्या व्हायब्रंट गुजरात प्रादेशिक परिषदेक सुरुवात जाताप्रधान मंत्री नरेंद्र

मोदीच्या विकसित भारत @२०४७ च्या दृष्टिकोनातल्यान सुरू केल्या या उपक्रमाचे उद्दिष्ट व्हायब्रंट गुजरात ग्लोबल समिटचे यश राज्यातल्या प्रत्येक प्रदेशात पावोवप आसा

वेचणूक आयोग (ECI)न राजकीय पक्षांक आगामी बिहार विधानसभा वेचणुका आणि विधानसभा पोटनिवडणुकांमदी

प्रतिस्पर्धी पक्षांक वा उमेदवारांक लक्ष्य करून कृत्रिम बुद्धिमत्ता- AI चो वापर करपाआड निर्देश दिल्यात. सोशल मीडिया प्लॅटफॉर्म आणि हेर प्रकारच्या जाहिरातीं चेर माहिती विकृत करपाक वा चुकीची माहिती पसरव पाक AI आधारित साधनांचो गैरवापर करपा आड आयोगान शिटकायला

आयज देशी शेअर बाजारांतल्या सेन्सेक्स आनी निफ्टी ह्या बेंचमार्क निर्देशांकांत सुरवातीच्या वेळार सुमार अर्द टक्क्यांनी

वाड नोंद जाली आनी सगळे क्षेत्र पाचव्या स्थितींत उरले. सेन्सेक्स 398 अंकांनी वाडून 82,172 अंकांचेर बंद जालो. तशेंच निफ्टी 136 अंकांनी वाडून 25,182 अंकांचेर बंद जालो.